09.04.205 7.25

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग

प्रादेशिक खबरो

गोंयांत आशील्ल्ली खारफुटी वाटावपाखातीर पर्यावरण खात्यान कडक पावला उबारल्यात. खारफुटी म्हणल्यारूच mangrooves पर्यावरण आनी दर्यादेग घटमुट दवरपाक मजत करतात. रान खात्याक, पी सी सी एफ खाला, राज्यभरांतल्या सुमार 3,500 मँग्रोव संबंदीत सर्वेक्षण क्रमांकांचें सविस्तर सर्वेक्षण करून तांकां संरक्षित वाठार म्हणून आरक्षित करपाक आपणे आदेश दीला अशी म्हायती रान खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या. ह्या सर्वेक्षणावरवी खारफुटीचो एक खासा अहवाल तयार जातलो अशी म्हायती मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या.तशेंच खारफुटी आशील्ल्या वाठारांनी खंयचीय अतिक्रमण वा अनधिकृत बांदकामा सोंसुन घेवचे ना .अशे करप्यांचेर खर कारवाय जातली अशी शीटकावणी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या.

राज्यांतली अनधिकृत बांदकामांक कायदेशीर करपा खातीर नवो अध्यादेश चालीक लावपाचो विचार सुरु आसा. उच्च न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण बेकायदेशीर बांदकामां आड कारवाय जातली. ताका लागून रस्त्यांचेर, म्हामार्गांचेर बेकायदेशीर रितीन बांदिल्लीं बांदकामां लोकांनी स्वताच काडून उडोवचीं अशें आवाहन मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केले. बेकायदेशीर बांदकामा संबंदी उच्च न्यायालयान दिल्ले आदेशा उपरांत मंगळारा मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मंत्री, आमदार तशेंच संबंदीत खात्याच्या अधिकाऱ्यां वांगडा उच्च पांवड्यावेली बसका घेतली. अनधिकृत बांदकामांचें नियमितीकरण करपा सयत बेकायदेशीर बांदकामां विशीं हे बसकेंत चर्चा जाली. बसके उपरांत पत्रकारां कडेन उलयतना मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें,की राज्यांत अनधिकृत बांदकामां नियमित करपा खातीर सरकार यत्न करता. हे खातीर आतां सरकार नवो अध्यादेश जारी करपाचो विचार करता. पूण न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण बेकायदेशीर रितीन बांदिल्लीं बांदकामां मोडून उडोवपाचो निर्णय सरकारान घेतला. देखून सरकारान कारवाय करचे पयलीं संबंदीतांनी रस्त्यांचेर वा म्हामार्गांचेर बेकायदेशीर रितीन बांदिल्लीं बांदकामां काडून उडोवचीं असो सल्लो तांणी दिलो.

राष्ट्रीय नमुनो सर्वेक्षण संघटणा NSSO च्या 78व्या आनी 79व्या फेरयेच्या निरिक्षणां विशीं चर्चा करपा खातीर आयज आनी फाल्यां गोंय विद्यापिठांत 18वो राष्ट्रीय परिसंवाद सुरू

आसा. राश्ट्रीय सांख्यिकी कार्यालय NSO सांख्यिकी आनी कार्यावळ अंमलबजावणी मंत्रालय MOSPI आनी गोंय विद्यापीठ, हाणी आयोजीत केलां. NSSO अंदूं 75 वर्सां पुराय करता. भारताचे धोरणात्मक निर्णय आनी रणनिती तयार करपाक हो एक मुखेल घटक. NSS हें सांख्यिकी पद्दतींतलें एक जागतीक मॉडेल.ह्या वेळार उलयतना NSS चे महासंचालक गीत सिंग राठोड हांणी म्हणलें,की "आमी नव्या तंत्रज्ञानाक वेंगायला , आमच्या सर्वेक्षणांची व्याप्ती वाडयला, आनी अचूकता, विस्वास पात्रताय आनी वेळार अंतर्दृष्टी सुनिश्चीत करपा खातीर आमच्या पद्दतींत सुदारणा केल्या आशे ताणी सांगले.

ह्या वेळार उलयतना गोंय विद्यापिठाचे कुलगुरू प्रो. हरीलाल मेनन हाणी उपग्रह डेटाचो प्रभावीपणान कसो उपेग करून नुस्तेंमारी वाडोवपा खातीर संभाव्य नुस्तेमारी वाठार वळखुपाक मेळटा तें सोदून काडपाचो विद्यापिठ यत्न करता अशें हांणी सांगलें.

मुरगांव बंदरातल्या १० आनी ११ नंबर धक्क्याचें व्यवस्थापनान खासगी करण केल्ल्यान आर्थिक संकट उप्राशिल्ल्या थाळाव्या व्यवसायिकांनी एकठाय येवन व्यवस्थापनाच्या निर्णयाचो निषेध केला. मुरगांव बंदर प्रधिकरणान १० आनी ११ नंबराचे धक्के खासगी आस्थापनाकडे चलोवपाक दिल्या. हाका लागून फाटली कितलीशीच वर्सा विंगड विंगड व्यवसायान आशिल्ल्या मुरगांव बंदरातल्या आस्थापनांचे व्यवसाय सध्या बंद पडपाच्या मार्गार आसा.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 34. 5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 24.8 डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता 75 % नोंद जाला. राज्यात फुडले चार दिस हवामान वताळ आसले तरिय काय सुवतिनि आनी काय दुर्गम वाठरांनी दमट उष्ण तापमान आसू येता आनी गड गड मारून पावस पडू येता. वारे वराक 45 ते 50 किलोमीटर वेगान व्हावटले देखून 11 तारीख म्हणसर नुसतेमारनी खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशी शिटकावणी वेधशाळेन दिल्या.

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं चंडीगढांत येजमान पंजाब किंग्सान चेन्नई सुपर किंग्साक 18 धांवड्यांनी हारयलो.